**“एक मनोहर कथा” पुस्तकाचे मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं प्रकाशन**

ता. 17 मार्च 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज गोंयचे आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त श्री. मनोहर पर्रीकर हांच्या दुसऱ्या पुण्यतिथीदिसा पणजे मिनेझीस ब्रागांझा सभाघरांत आयोजीत एका कार्यावळीत नामनेची लेखिका श्रीमती मंगला खाडीलकर हांणी बरयिल्ल्या आनी नवचैतन्य प्रकाशन, मुंबय हांणी प्रकाशीत केल्ल्या “एक मनोहर कथा” पुस्तकाचे विमोचन केले.

सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांच्या जीणेचेर बरयिल्ले “एक मनोहर कथा” हे पुस्तक म्हळ्यार सर्गेस्त पर्रीकरांच्या स्मृतींचो संग्रह जावन आसा. सर्गेस्त पर्रीकर हांच्या राजकीय तशेंच सामाजीक जीणेचेर बरयिल्ले हे पुस्तक फुडल्या पिळगेक प्रेरणादायक थारतले, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ह्या वेळार उलयताना सांगले.

नवचैतन्य प्रकाशनाचे मालक श्री. शरद मराठे हांणी कार्यावळीक उपस्थित आशिल्ल्यांक येवकार दिलो जाल्यार मिनेझीस ब्रागांझा संस्थेचे वांगडी सचीव श्री. गोरख मांद्रेकर हांणी कार्यावळीचे सुत्रसंचालन केले आनी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/314

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji